# आत्मनिर्भर जावपा खातीर सामान्य मनशाक उर्बा दिवची- मुख्यमंत्री

ता. 24 जुलय 2020

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सरकारान समाजातल्या सामान्य मनशाच्या कल्याणाखातीर अंमलबजावणी केल्ल्या अनेक येवजणांचो लाव तांचे मेरेन पावपा खातीर संबंदीत सरकारी खात्यांनी आनी अर्थिक संस्थांनी सामान्य मनशाक प्रोत्साहन दिवपाची गरज उक्तावन अशा येवजणांचो लाव घेवन सामान्य मनीस आत्मनिर्भर जावपाक शकतलो, अशें सांगले.

मुख्यमंत्री काल पर्यटन भवन, पाटो हांगा आत्मनिर्भर भारत कार्यक्रमाचो नियाळ घेवपा खातीर आयोजीत बसकेत उलयताले. बसकेक उद्देग आनी कृषी क्षेत्रातले वेवसायिक उपस्थीत आशिल्ले.

मुख्यमंत्र्यान संबंदीत यंत्रणांक कल्याणकारी येवजणो तळागाळातल्या सामान्य मनशा मेरेन पावपा खातीर नियोजनबद्द कार्यक्रमाची आखणी करपाची सुचोवणी केली. तशेंच खात्याकडेन आयिल्ल्या अर्जांचे सोपस्कार बेगीनांत बेगीन पुर्ण करून अर्जदारांक थाकाय दिवची आनी येवजणांचो लाव मेळपाक मजत करची, अशें सांगले.

बसकेत वेगळी वेगळी सरकारी खातीं, नाबार्ड, स्टेट बँक ऑफ इंडिया, गोवा राज्य सहकारी बँक आनी हेर संस्थां मार्फत अंमलबजावणी करपात येवपी येवजणांचो नियाळ घेतलो. तशेंच बसकेत मुद्रा शिशू रीण, आत्मनिर्भर भारत निधी, प्रधानमंत्री आवास अशा येवजणांचेरय चर्चा जाली.

बसकेक मुख्यमंत्र्याचे सचीव श्री. जे. अशोक कुमार, कृषी खात्याचे सचीव श्री. कुलदीप सिंग गांगर, गोरवां सांबाळ आनी चिकित्सा खात्याचे संचालक डॉ. संतोष देसाय, आरबीआयचे उपवेवस्थापक श्रीमती मिनाक्षी गाड, सुडा, चे अधिकारी श्री. संदेश सैल, नगर विकास खात्याचे संचालक श्री. तारिक थॉमस, सीडको आनी हुडको चे अधिकारी हजर आशिल्ले.

म्हा /सप/ ऑपे/ विगां/ 2020/413

--
DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA